# पत्रकारांक पणजी शारांत पत्रकार कक्ष उपलब्ध करपाचे मुख्यमंत्र्यांचे उतर

ता. 26 जुलय 2023

ह्या वर्स मेरेन पत्रकारांक पणजी शारांत सगळ्यों सुविधां आशिल्लो "पत्रकांर कक्ष" मेळटलो, अशें उतर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिले. मुख्यमंत्री आयज गोंय पत्रकांर संघाच्या (गुज) 46 व्या स्थापणूक दीस आनी पत्रकारिता पुरस्कार (2021,2022) भेटोवपाच्या कार्यक्रमात मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.

पत्रकारिता पुरस्कार जैतिवंताचे अभिनंदन करून डॉ. सावंत हांणी पत्रकारांखातीर ई-बाईक घेवपाक अर्थीक मदत दिवपाखातीर अर्थसंकल्पात तजवीज केल्ल्याचे सांगलें. हे येवजणेची अंमलबजावणी करपाचे काम चालू आसा. तशेंच फुडल्या वर्सा सावन पत्रकारांखातीरच्या घरबांदणी येवजणे खातीर अर्थसंकल्पात तजवीज करपात येतली, अशेंय तांणी सांगलें. बातम्यांच्या विश्वसनीयते विशीं आपले मत व्यक्त करतना डॉ. सावंत हांणी पत्रकारांनी बातमी प्रसिध्द करचे पयली त्या बातमीचे सत्य जाणून घेवपाक सांगलें. चुकीची वा असत्य बातमी प्रसिध्द केली जाल्यार प्रसारमाध्यमांची विश्वसनीयता कमी जातली, अशें तांणी म्हणलें.

कार्यक्रमाचे सन्माननीय सोयरे विरोधी पक्ष फुडारी श्री युरी आलेमाव हांणी पत्रकारांक संघाच्या 46 व्या स्थापणूक दिसाची परबीं भेटयली आनी पुरस्कार जैतिवंत पत्रकारांचे अभिनंदन केले. पत्रकारांक प्रोत्साहन दिवपाखातीर तांच्या कामाची दखल घेवप आवश्यक आशिल्ल्याचे तांणी सांगले. युरी आलेमाव हांणी फेक न्यूज एजन्सीविशीं हुस्को व्यक्त करून पत्रकारांनी अशा फेक न्यूज एजन्सीविशी सादूर रावपाची गरज व्यक्त केली.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री दिपक बांदेकर हांणी देशातल्या प्रत्येक घटकाखातीर प्रसारमाध्यमां म्हत्वाची आशिल्ल्याचें सांगलें. पत्रकारांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर गुजा प्रमाण म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीनय गोंय राज्य पत्रकार पुरस्कार येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता अशें तांणी सांगलें. मुख्यमंत्र्यान अर्थसंकल्पात दिल्ल्या आस्वासना प्रमाण पत्रकार निवृत्ती वेतन म्हयन्याक 10,000 रुपया केला आनी ताचे जून म्हयन्या सावन वितरण सुरू जाला. श्री बांदेकर हांणी पत्रकारांक सरकार आनी समाजामदी समन्वय निर्माण करपाचे काम करपाची मागणी केली.

मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं ज्येश्ट ग्रामीण पत्रकार रामनाथ देसाई आनी दयानंद राणे हांचो ग्रामीण पत्रकारिता क्षेत्रातल्या समर्पित सेवेखातीर ज्येष्ठ पत्रकार सुरेश वाळवे हांच्या स्मरणार्थ पुरस्कार भेटोवन सत्कार केलो.

पर्यावरण पत्रकारिते खातीरचो फेलिसिओ कार्दोज पुरस्कार श्रीमती गौरी मळकर्णेकर (द टाइम्स ऑफ इंडिया), पर्यावरणीय फोटाग्राफिखातीरचो सिरिल डिकुन्हा पुरस्कार श्री. राकेश मुड्ये आनी श्री सगुण गावडे (हेराल्ड) हांका भेटयलो.

सोद पत्रकारिते खातीरचो लॅम्बर्ट मास्कारेन्हस पुरस्कार श्री न्यूटन सिक्वेरा (द टाइम्स ऑफ इंडिया) आनी गेरार्ड डी सूझा (हिंदुस्तान टाईम्स) हांका भेटयलो.

फोटो-पत्रकारिता पुरस्कार श्री सगुण गावडे (हेराल्ड) हांका भेटयलो.

ग्रामीण पत्रकारिते खातीरचो सुरेश वाळवे पुरस्कार श्री अजय लाड (गोवन वार्ता) आनी निर्घोष गावडे (द नवहिंद टाईम) हांका भेटयलो.

कला आनी संस्कृती पत्रकारिते खातीरचो पुरस्कार श्री रामनाथ पै रायकर (द नवहिंद टाईम्स) आनी श्रीमती गौरी मळकर्णेकर (द टाइम्स ऑफ इंडिया) हांका भेटयलो.

क्राइम पत्रकारिते खातीरचो औदुंबर शिंदे पुरस्कार गौरी मळकर्णेकर (द टाइम्स ऑफ इंडिया) आनी श्रीमती विभा वर्मा (द गोवन) हांका भेटयलो.

लेआउट आनी पेज डिजायन खातीरचो पुरस्कार श्री मनोज शिरोडकर (हेराल्ड) आनी श्री सुनील डिचोलकर (हेराल्ड) हांका भेटयलो.

खेळा पत्रकारिता पुरस्कार श्री मार्कुस मेरगुल्हाओ (द टाइम्स ऑफ इंडिया), टीव्ही/डिजीटल पत्रकारिता पुरस्कार श्री लौकिक शिलकर (प्रुडंट) आनी श्री उपेंद्र नाईक (गोमंतक टीव्ही) आनी व्हिडिओ पत्रकारिता पुरस्कार श्री उपेंद्र नाईक (गोमंतक टीव्ही) हांका भेटयलो.

"गुज" चे अध्यक्ष श्री राजतिलक नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री वासुदेव पागी हांणी निमाणे उपकार मानले.

श्रीमती प्रज्ञा राणे आनी श्री सचिन सुर्लीकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/591

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity


Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.